MKB

येवपी सणाचो हंगाम देशी उत्पादनांनी मनवचो आनी व्हॉकल फॉर लोकल मंत्र आपणावचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मारला. आकाशवाणीचेर आपल्या मन की बात कार्यावळींत आपले विचार सांगतना मोदी हांणी सांगलें, की फुडल्या दिसांनी महोत्सव एका फाटल्यान एक येत आसात आनी जीएसटी बचत महोत्सवूय चालू आसा. लोकांनी देशांत तयार केल्लीं उत्पादनां विकतीं घेवपाचो संकल्प करचो असो उलो तांणी मारला.महात्मा गांधी सदांच स्वदेशी आपणावपाचेर भर दिताले आनी तातूंत खादी ही सगळ्यांत म्हत्वाची अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. 2 ऑक्टोबराक खादीचीं उत्पादनां विकतीं घेवन सोशल मिडियाचेर - व्हॉकल फॉर लोकल ह्या हॅशटॅगान शेअर करपाक मोदी हांणी उलो मारला. नविका सागर परिक्रमा वेळार आठ म्हयने दर्यांत रावपी भारतीय नौदलाच्या दोन धाडसी अधिकाऱ्यांच्या पराक्रमाचेर मोदी हांणी भर दिलो. आयच्या मन की बातांत प्रधानमंत्र्यान लेफ्टनंट कमांडर दिलना आनी लेफ्टनंट कमांडर रुपा हांचे कडेन संवाद सादलो. तांणी दाखयल्लें अथांग धैर्य आयकून आपूण खूब खोशी जाला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. तांचे कश्ट, येस आनी कामगिरी देशांतल्या तरणाट्यांक, खास करून चलयांक प्रेरणा दितली असो विस्वास तांणी उक्तायलो. मोदी हांणी म्हणलें, मन की बात ह्या 126 व्या भागाक आयज स्वातंत्र्यसेनानी भगत सिंग आनी गायिका लता मंगेशकर हांची जल्मदीस आशिल्ल्यान खाशेलें म्हत्व आसा. लता मंगेशकराक श्रद्धांजली ओपतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणलें, तिचीं गितां मनशाच्यो भावना उक्तायतात आनी तिच्या देशभक्तीचीं गितां लोकांक खूब प्रेरणा दितात.

---

Jan dhan

सेवा आनी सुशासान म्हळ्यार लोकसेवा आनी सुशासन ह्या मंत्रान मार्गदर्शन करून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल सरकार परिवर्तन आनी प्रगती हाडपा खातीर प्रयत्न करता. मोदी सरकारान प्रधानमंत्री जन धन येवजणे वरवीं अर्थीक समावेश फुडें व्हेला , लाखांनी घरांक बँकिंग, बचत, आनी स्वाभिमान मेळोवन सशक्त केला. Capsule

---

मुखेलमंत्री

गोंय आनी गोयकारपण तिगोवन दवरपाखातीर मुख्यमंत्री म्हणून आपुण कटिबद्ध आसा गोयकारांच्या फुडले पिळगेचो विचार करूनच सरकारी नोकरी खातिर कोकणी भाषेची सक्ती आपुण केल्या अशी माहिती मुख्यमंत्री सावंत हाणी दिली.हो निर्णय घेता आसताना राजकीय हेतूतल्यान प्रेरित राजकारणांनी आपल्याचेर टीका केली मात खूप कोकणी भाषेच्या मोगीनी आपणे घेतीलो निर्णय योग्य आसा अंशे सांगले. साखळी कोकणी सेवा केंद्राचे कार्य तोखणायेक पात्र आसा असे मत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणी उकितायले. साखळी कोकणी सेवा केंद्राच्या 39 भांगरा पदक आणि इनाम वाटप सोहळ्यात मुखेल सोयरे म्हुण ते उलयतीले. ह्यावेळार त्यांच्या वांगडा नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू ,सत्कारमूर्ती झिलु गावकर, कोकणी सेवा केंद्राचे अध्यक्ष श्याम फातर्फेकर आणि हेर मानिस्त हजर आशिल्ले. मुख्यमंत्र्याचे हस्तुकी दहावी बारावी आणि पदवी परीक्षेत कोकणी विषयात चड गुण घेतलेल्या विद्यार्थ्यांचो बहुमान जालो. हेच कार्यवाहीत कोकणी साहित्यिक आणि नाटककार झिलु गावकर हांचो मुखेलमंत्र्यांचे हस्तुकी सत्कार जालो. सारिका शिरोडकर हिणे सूत्रसंचालन केले. समीर प्रभू हाणी उपकाराचे उलोवप केले.

---

कोंकणी केंद्र सुवळो

थळाव्या लोंकांच्या विरोधाक लागून सरकारान कोडारचो नियोजीत आयआयटी प्रकल्प रद्द केला अशी म्हायती आयज थळावे आमदार आनी उदका स्तोत मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दील्या.पणजे घेतील्या पत्रकार परिशदेंत आयज तांणी ही म्हायती दिली.

कोडार गांवांत कोमुनिदादीची 19 लाख चौखण मिटर जमीन आसा. हे जमिनींत पिकावळ ना. हाका लागून आयआयटी खातीर हे जागेचो विचार आशिल्लो. काय दिसां पयली मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन बसका जाली. लोकांक नाका जाल्यार आयआयटी कोडार हांगा जावची ना, अशें आस्वासन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिलें. हाका लागून कोडार आयआयटीचो प्रस्ताव आतां रद्द जाला.

---

आयआयटीरद्द

ग्रामस्थांच्या विरोधाक लागून सरकारान कोडारचो नियोजीत आयआयटी प्रकल्प रद्द केला. थळावे आमदार आनी उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी पत्रकार परिशदेंत ही म्हायती दिली. कोडार हांगा कोमुनिदादीची 19 लाख चौमी

जमीन उपलब्ध आसा. हे जमिनीत पिकावळ ना. हाका लागून आयआयटी खातीर हे जागेचो विचार आशिल्लो. काय दिसांपयली मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन बसका जाली. लोकांक नाका जाल्यार आयआयटी कोडार हांगा जावची ना, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केले. आयआयटी फर्मागुडी हांगा सुरू आसा. ती सुरू उरपाक जाय, अशें मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगले.

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्यांच्या सरकारन पीएम किसान सन्मान निधीच्या मध्यमातल्यान देशांतल्या शेतकरांक कशे  सक्षम केल्यात हे विशी हो आसा एक नियाळ . capsule

---

निर्बिजीकरण

रस्त्यार हेडपी आनी घरगुती सुण्यांचे निर्बिजीकरण करून तांकां रेबीज दुयेंसाची लस दिवपाची फोंडा नगरपालिकेची मोहीम फाल्यां ( २९ सप्टेंबर ) सावन सुरू जातली. ही मोहीम ३१ ऑक्टोबर मेरेन चलतली. . ह्या मोहिमेचे आनी शिबिराचें उक्तावण मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या हाजिरेंत जातलें. ही मोहीम वर्ल्ड वाइड पशुवैजकी सेवा आनी मिशन रेबीज हांच्या सहकार्यान चालीक लायतले. ह्या कार्यावळीक गोरवा सांबाळ मंत्री निळकंठ हळणकर , शेतकी मंत्री रवी नायक, तशेंच फोंडा पालिकेचे नगराध्यक्ष आनी नगरसेवक हाजीर आसतले. कुर्टी फोंडांतल्या पशुपालन खात्याच्या मैदानाचेर हें शिबिर जातलें .

---

खेळ

४४ वे गोल्ड सिल्वर घोलट्या करंड फुटबल सरतींत सां जुजे दी आरीयल cluban वेरनेच्या यूनायटेड कलुबाक टाय ब्रेकर वरवी ६/३ गोलानी  हारोवन  सारतीचे फिनालित पावल दवरला . हो खेळ नावेलीच्या रोजरी मैदानाचेर जालो .

---

हवामान ७२

आयज पणजे वेधशाळेन नोंद केला ते प्रमाण पणजेत चडांत चड तापमान २६. ४ अंश celcius आसा आणि उसात उणे तापमान २३. ४ अंश celcius आशिल्लो जाल्यार मुरगावात चडांत चाड २७. ६ अंश celcius आनी उसात उणे तापमान २३. ४ अंश celcius तापमान नोंद जाला फुडल्या पांच दिसात राज्यात चडांत चड वा मध्यम स्वरूपाचो पावस पदपाची शक्यताय

आसा अशे हवामान खात्यान  उक्तायला .नुसतेमर्यानी नुसते पाकपक खोल दऱ्यांत वचचे न्हय अशी क्षितकावणी वेधशाळेन दिल्या